# Panaji regional news 16.11.2025,7.20 pm

**स्वयं रोजगार येवजण**

राज्यांत उद्देजकतेचें प्रशिक्षण दिवन नवनिर्मिती आनी उद्देजकतेचें वातावरण तयार करपा खातीर सरकारान मुखेलमंत्री स्वयं रोजगार येवजण सुरू केल्या. प्रशिक्षणाची पयली कार्यशाळा २६ ते २९ नोव्हेंबर मजगतीं जातली, अशी माहिती मुखेलमंत्र्यांच्या कार्यालया कडल्यान मेळ्ळी. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी 12 नोव्हेंबराक येवजणेचे उक्तावण केल्ले.

ईडीसी वरवीं हे येवजणेची कार्यवाही करतले. २०३० मेरेन स्टार्ट अप आनी उद्देगां खातीर पुश्टीक वातावरण, सुविधा उबारपाचें उद्धीश्ट आसा, अशी म्हयती ईडीसीच्या अधिकाऱ्यांनी दिली. आयटीआय, पॉलीटेक्नीक आनी हेर महाविद्यालयांतल्या प्राध्यापकांक उद्देजकताये विशीं प्रशिक्षण दितले. वर्साक ३०० जाणांक हें प्रशिक्षण दितले. स्टार्ट अप्स आनी इन्कुबेशन सेंटरची म्हायती दितले. उपरांत ६ म्हयने ते १ वर्सा मेरेन अर्दीं मर्दीं कार्यशाळा तशेंच प्रशिक्षण शिबीरां जातलीं.

**ईएसएम रॅली**

सेवा आनी बलिदानाक एक गूंजपी सलामी : गोंयांतल्या बांबोलीम हांगा दागेसीक मान दिवपी ईएसएम रॅली

सेवा आनी बलिदानाक एक चकचकीत श्रद्धांजली म्हणून 2 एसटीसीन बांबोलीम लश्करी स्टेशनाचेर ईएसएम रॅली घडोवन हाडली, तातूंत वीर मातास, वीर नारीस, गोंयचे वरिश्ठ दिग्गज आनी सजयल्ले साध्यताय आशिल्ले 350 वयर दिग्गज एकठांय एकठांय हाडले. ह्या काऱ्यक्रमांत अभिमान, एकचार आनी उपकाराची भावना उजवाडाक आयली आनी भारतीय सैन्याची आपल्या विस्तारीत कुटुंबा कडेन आशिल्ली अखंड वचनबद्धताय परतून पुष्टी जाली.मुखेल सोयरो म्हूण अध्यक्षपद सांबाळून ब्रिगेडियर हर्ष भाटिया, Comdt 2 STC & Station Commander हांणी सगळ्या हाजीर आशिल्ल्यांक मान दिलो आनी रॅलीक संबोधन केलें.सेवा संबंदीत काळजी बेगीन सोडोवपा खातीर तक्रार निवारण कोशिकां खातीर घटमूट आदार चौकटी, तज्ञ काळजी आनी निरोगीपण सेवा दिवपी वैजकी शिबिर,

भलायकी जतनाय घेवपाची विनाशिलताय मेळोवपाची खात्री करपी ईसीएचएस सुलभताय बूथ आनी अर्थपूर्ण दुसरे करिअर खातीर दिग्गजांक सशक्त करपी करिअर आनी नोकरी संद काउंटरांचो आस्पाव ह्या रॅलींत आशिल्लो.

डीआयएव्ही, एडब्ल्यूपीओ, एनजीओ आनी नागरी एजन्सी हांच्या पुराय मनान सहभागान ह्या कार्यक्रमांत लश्कराचो काळजी, करुणा आनी स्वाभिमानाचो आचार-विचार दाखयलो.

ही रॅली फकत एक कार्यावळ न्हय, आमचे खातीर उबे रावपी लोकां कडेन सदांच उबे रावपाचें आमच्या सामुहीक उतराची परतून पुष्टी आशिल्ली.आमची सेवा करपी लोकांची सेवा करप

**जीसीए पत्र परिशद**

धारगळ हांगा क्रिकेट स्टेडियमा खातीर गोंय क्रिकेट संघटणेकडेन फावो ते सगळे परवाने आसा. मात स्टेडियम उबारपाचो जागो आजून निश्चीत जावंक ना, अशें गोंय क्रिकेट संघटणेचे अध्यक्ष महेश देसाय हांणी सांगलें. परवान्यांची मुजत सोपल्या आसली जाल्यार नव्यान परवाने घेतले, अशें तांणी सांगलें.गोंय क्रिकेट संघटणेची साबार बसका आयतारा जाली. हे बसके उपरांत पत्रकार परिशदेंत ते उलयतालें. धारगळ हांगा क्रिकेट स्टेडियम उबारपाचो मुळावो वावर सुरू जाला, अशें तांणी सांगले. बायलांचे क्रिकेट फुडें वरपा खातीर गोंय क्रिकेट संघटणा 20 नवी प्रशीक्षण केंद्रां सुरू करतलें. बायलां क्रिकेटी खातीर नेहा तन्वर हांची प्रशीक्षक म्हूण नियुक्ती जाल्या. हाका लागून बायलां क्रिकेटीक उर्बा मेळटली, अशी आस्त तांणी उक्तायली.जीसीए पत्र परिशदधारगळ हांगा क्रिकेट स्टेडियमा खातीर गोंय क्रिकेट संघटणेकडेन फावो ते सगळे परवाने आसा. मात स्टेडियम उबारपाचो जागो आजून निश्चीत जावंक ना, अशें गोंय क्रिकेट संघटणेचे अध्यक्ष महेश देसाय हांणी सांगलें. परवान्यांची मुजत सोपल्या आसली जाल्यार नव्यान परवाने घेतले, अशें तांणी सांगलें.गोंय क्रिकेट संघटणेची साबार बसका आयतारा जाली. हे बसके उपरांत पत्रकार परिशदेंत ते उलयतालें. धारगळ हांगा क्रिकेट स्टेडियम उबारपाचो मुळावो वावर सुरू जाला, अशें तांणी सांगले. बायलांचे क्रिकेट फुडें वरपा खातीर गोंय क्रिकेट संघटणा 20 नवी प्रशीक्षण केंद्रां

सुरू करतलें. बायलां क्रिकेटी खातीर नेहा तन्वर हांची प्रशीक्षक म्हूण नियुक्ती जाल्या. हाका लागून बायलां क्रिकेटीक उर्बा मेळटली, अशी आस्त तांणी उक्तायली.

**शिक्षण संचालनालयान**

शाळेच्या वाठारां भितर हेडपी सुण्यांचेर नियंत्रण दवरपा खातीर सद्या कसल्यो उपाय येवजण्यो केल्यात हे विशींची सद्य स्थितीचो अहवाल शिक्षण खात्यान मागयला. फाल्या 17 नोव्हेंबर मेरेन हो अहवाल शिक्षण संस्थेच्या सगल्या मुख्याध्यापकांनी  धाडचो अशें संचालक शैलेश झिंगडे हांणी मांगलां.सर्वोच्च न्यायालयान 7 नोव्हेंबराक स्वेच्छा दखल याचिकेत देशांतल्या सगळ्या शैक्षणीक संस्था जशे शाळा, महाविद्यालय आनी कोचिंग संस्थांच्या वाठारांत सुण्यांचो वावर आडावन विद्यार्थ्यां खातीर सुरक्षीत वातावरण तयार करपा खातीर उपाय येवजण हातांत घेवपाचो आदेश दिल्लो.ह्या आदेशाक पाळो दित शाळांचे सुवातेत बेवारशी सुणीं भितर सरची न्हय हे खातीर योग्य ती जतनाय घेवची, शाळेच्या सरभोंवतणचो वाठार नितळ दवरचो आनी शाळे कुशीक सुण्यांची वस्ती आसा कांय ना ते पळोवपा खातीर तीन म्हयन्यांन एकदा नियाळ घेवचो, अशें निर्देश शिक्षण संचालनालयान परिपत्रक काडून सगळ्या मुळावी, सरकारी, अनुदानीत आनी बिगर अनुदानीत शाळांक दिल्यात .

पणजी वेधशालेन दिल्ले म्हायती प्रमाण आयज पणजेंत चडांत चड तापमान 33.2अंश सेल्सिअस आनी उण्यांत उणे 20,5अंश सेल्सिअस नोंद जालां. मुरगांवांत चडांत चड32.5 अंश सेल्सिअस आनी उण्यांत उणे 21.6अंश सेल्सिअस तापमान नोंद जालां.सध्या राज्यांत वातावरण सुकें आसा.राज्यांत कांय जाग्यांचेर शीं तशेंच फांतोडेर धुकें पडपाचो अदमास हवामान खात्यान परगटायला.